18 February 6:30 Pm

राष्ट्रपती  द्रौपदी मुर्मू हांणी आयज विशाखापत्तनम दर्यादेगेर आंतरराष्ट्रीय फ्लीट रिव्ह्यू 2026 चो नियाळ घेतलो. भारताच्या वाडत वचपी दर्यावेल्या क्षमता आनी जागतीक नौदल सहकार्याखातीर ताची वचनबद्धताय हांचेर ताणी भर दिला.

आयएनएस सुमेधा ह्या राष्ट्रपती जहाजावेल्यान ताणी दर्यादेगेर नांगरून दवरिल्ल्या 71 भारतीय आनी परकी तारवांचे निरीक्षण केले. ह्या काफयेंत भारतीय नौदलाचीं ४५ तारवां, १९ भेट दिवपी झुजारी जहाजां आनी दर्यादेग राखण, वेपारी नौदल आनी संशोधन संस्थांचें प्रतिनिधित्व करपी हेर जहाजांचो आस्पाव आशिल्लो, तातूंतल्यान दर्यावेल्या सहभागाचें प्रमाण आनी विविधताय दिसून येता.
ह्या सभाक संबोधीत करतना अध्यक्षान स्थिर दर्यावेवस्था सुनिश्चीत करपा खातीर राश्ट्रां मदीं एकचार, विस्वास आनी सामुहीक जापसालदारकेचें म्हत्व रेखांकित केलें.

दर्यावेल्या मळार भारताचो  वावर वासुधैव कुतुंबकमाच्या संस्कृतायेच्या आचारसंहितेंतल्यान चलता, अशें राष्ट्रपती हांणी नदरेक हाडलें.

दुसरें मंत्रीमंडळ तयार करपाखातीर जपानी प्रधानमंत्री साने ताकाची हांची संसदेन परतफावट नेमणूक केल्या. फाटल्या सप्तकांत वेंचणुकेंत व्हड जैत मेळयल्या उपरांत जपानी प्रधानमंत्री सनाए ताकाइची हांची आयज संसदेन परत एक फावट नेमणूक करून तांचे दुसरें मंत्रीमंडळ घडोवन हाडलां. ताकाइची हाणी डिसेंबर मेरेन जपानाची लश्करी क्षमता घटमूट करपाची, संरक्षण खर्च वाडोवपाची आनी सुरक्षा धोरणांचो नियाळ घेवपाची येवजण आंखल्या. तशेंच शस्त्रांची निर्यात वाडोवपाक आनी इमिग्रेशन नेम खर करपाक ताणी तेंको दिला. अर्थीक मळार वाडपी दर आनी सुस्त पगाराचेर उपाय काडप हेंतांचे तात्काळ प्राधान्य आसा अशे ताणी म्हळा.

वास्तव जगांतले प्रस्न सोडोवपा खातीर भारत एआयचेर मुखेलपणान लक्ष केंद्रीत करता अशें केंद्रीय मंत्री अश्विनी वैष्णव हाणी म्हणला. नवी दिल्लींत जाल्ल्या इंडिया एआय इम्पॅक्ट समिटाच्या तिसऱ्या दिसा संशोधन परिसंवादाच्या उक्तावण सुवाळ्याक संबोधीत करतना केंद्रीय इलॅक्ट्रॉनिक्स आनी म्हायती तंत्रज्ञान मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी भारत वास्तव जगांतल्या समस्या सोडोवपा खातीर एआयचेर खरपणान लक्ष केंद्रीत करता अशे म्हणला. उद्देगांत उत्पादकता वाडोवपा खातीर आनी भलायकी जतनाय, शेतकी आनी हवामान बदल अशा लोकसंख्येच्या प्रमाणांतल्या आव्हानांक तोंड दिवपा खातीर देश एआय वापराक प्राधान्य दिता अशें तांणी सांगलें.

एआय शिखर सभेचो उल्लेख करून तातूंतल्यान वेगवेगळ्या तंत्रीक गजालींचेर विचार करपाची म्हत्वाची संद मेळटा हे तांणी नदरेक हाडलें. एआय हें एक बळिश्ट साधन आसा आनी ताचो वापर मनीसपणाच्या फायद्या खातीर करचो असो संदेश ताणी दिला.

पांचवी गोंय दर्यावेली परिशद शेनवारा 21 तारखेक  बेतीवेरेच्या नेव्हल वॉर कॉलेजींत जातली. संरक्षण राज्यमंत्री संजय सेठ हे परिशदेचे  मुखेल सोयरे म्हण हाजिर  आसतले. नौदलाचे  मुखेली एडमिरल दिनेश त्रिपाठी ह्या परिशदेची येजमानकी चलयतले, जातूंत 14 देशांतले नौदल फुडारी आनी वरिश्ठ प्रतिनिधी वाटेकार जातले. हि परिशद हिंद म्हासागर वाठारांतल्या,  दर्यावेल्या सुरक्षा आव्हानांचेर आनी उदयाक येवपी धोके उणे करपाच्या मार्गाचेर भर दिता. तशेच बेकायदेशीर, अहवाल नाशिल्ली आनी नियंत्रीत नाशिल्ली नुस्तेंमारी, मादक पदार्थांचो वेपार आनी अर्थीक सुरक्षा, पर्यावरणीय टिकावूपण आनी प्रादेशिक स्थिरतायेचेर परिणाम करपी हेर बेकायदेशीर दर्यावेल्या कार्यावळींचो हातून आस्पाव जाता पयलेच खेपे गोंयांतल्या नौदल झुजा म्हाविद्यालयाच्या नव्या शिक्षणीक संकुलात ही परिशद घडोवन हाडटा.  प्रधानांमंत्रांच्या महासागर दृष्टिकोनाक धरून हिंद म्हासागराच्या वाठारांतल्या दर्यावेल्या सुरक्षा आव्हानांक सहकार्यान उपाय तयार करपाक आनी चालीक लावपाक गोंय दर्यावेली परिशद म्हत्वाचो मंच आसा

आयसीसी दादल्यांच्या  टी-20 विश्वचषक सरतींत  अ गट सामन्यांत भारत नेदर्लंडा आड खेळटलो आयसीसी दादल्यांच्या टी-20 विश्वचषकांत आयज तीन सामने जावपाचे  असात. फाटल्या खेळांत जैत मेळ्ळयाउपरांत भारत आयज अहमदाबादच्या नरेंद्र मोदी स्टेडियमाचेर अ गट सामन्यांत  नेदर्लंडसा आड खेळटलो. थळाव्या वेळा प्रमाण सांजवेळा 7 वरांचेर मॅच सुरू जातली